**Panaji Regional**

**25 July 2026**

**PM Fast Track Court**

पेपर लीक घडणुके उपरांत फाटल्या अडेज म्हयन्यांत जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. गुन्यांवकारांक अटक जाऊन तें बंदखणींत आसात, हे वांगडाच आता सरकार फास्टट्रॅक कोर्ट सुरु करतालें हे बद्‌दल उलयताना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या व्हिडियोक मेळिल्ल्या प्रतिसादा खातीर आनी सुचोवण्यां खातीर देशांतल्या तरणाट्यांचे उपकार मानल्यात. सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून तरणाट्यां कडल्यान मेळिल्ल्या व्हड आदाराचेर तांणी उपकार मानले.

**PM Fast Track Court**

पेपर लीक घडणुके उपरांत फाटल्या अडेज म्हयन्यांत जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. गुन्यांवकारांक अटक जाऊन तें बंदखणींत आसात, हे वांगडाच आता सरकार फास्टट्रॅक कोर्ट सुरु करतालें हे बद्‌दल उलयताना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें .

**Aparant Surakshita Bhavan**

गोंयात बेगीनुच occupational safety doctor अभ्यासक्रम सुरू करतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. हो अभ्यासक्रम शिकील्ल्या मनशांक देशांत तशेंच विदेशांत उद्देगीक मळार व्हड मागणी आसा अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

अपरांन्त सुरक्षिता भवन" ह्या गोंय बाश्पक आनी कारखानो कार्यालयाच्या नुतनीकरण वास्तुचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. green open space आशील्ल्या ह्या बिल्डींगेच्या कामाखातीर 13 कोटी रूपया खर्च केल्यात, सौरउर्जा, हवेशीर वातावरण, तशेंच अत्याधुनीक यंत्रणेसयत ही वास्तु सुसज्ज आसा. उद्देगां खातीर आता बॉयलरांची 3rd पार्टी तपासणी करपाची प्रक्रिया पुराय जाल्या आनी आतां 48 वरां भितर बॉयलर तपासणी प्रमाणपत्रां जारी करतले, हाका लागून गोंयांत 'ईज ऑफ डूइंग बिझनेस' सुदारपाक मजत जातली अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

**CM Pramod Sawant**

फार्मासुटीकल्स, अभियांत्रिकी, लोजिस्टीक, अन्न प्रक्रिया तशेंच हेर मळावेले जागतिक पावंड्यावेले उद्देजग गोंयात तांचे उद्देग सुरु करपाक पयली पंसती दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या उद्दगिक मळाक उर्बा दिवपाक ,तशेंच गरजेच्यो सगल्यो मुळाव्यो आनी आधुनिक साधन सुविध दिवपाक गोंय सरकारान वेगवेगळी पावला उबारल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिली, पणजे एक कार्यावळीदरम्यान उलयताले.

**Naksha Project**

मडगाव, कुंकळी आनी पणजेच्या 'नक्षा' पायलट प्रकल्पांत मालकी वा मूळ जमनीच्या नोंदींत कसलोच बदल जायना, ते पुरायपणान सांबाळून दवरले वतात अशें भूंय संसाधन खात्यान स्पश्ट केलां. 'डिजिटल इंडिया लँड रेकॉर्ड्स मॉडर्नायझेशन प्रोग्रामा' खाला

जीआयएस आनी ड्रोन आदारीत सर्वेक्षणांत शारी जमनीच्या नकाशाची अचूकता वाडोवप, शिमेचे वाद उणे करप आनी शार नियोजनाक आदार दिवप हो हेत आसा. ह्या प्रकल्पांत भौशीक सत्यापन आनी गैरहाजीर जमनीच्या मालकांक सुरक्षा दिवपाचो आस्पाव आसा. मालमत्तेच्या मालकांनी 16 जुलय ते 14 ऑगस्ट मेरेन मारगांवच्या सर्वेक्षण आनी जमीन नोंद निरिक्षकाच्या कार्यालयांत सत्यापना खातीर आपले मालकीचे कागदपत्र सादर करूं येतात.

**FDA Intensifies Food Safety Drive in South Goa**

अन्न आनी वखदां प्रशासनान दक्षिण गोंयांत तपासणी मोहीम चड खर केल्या अशें गोंयचे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें, सुरक्षीत आनी नितळ अन्न दिवप हें सरकाराचें प्राधान्य आसा. साष्टीतल्या एका दुध पुरवणदाराक परवानो नासतना काम केल्ल्यान आनी लेबल नाशिल्लो पनीर विकपा खातीर 30 हजार रुपया दंड भरचो पडलो; तशेंच 20 किलो पनीर जप्त करून ताचें नमुनेय ताब्यान घेतल्यात. रुंमडमळात खाद्य दुकानांची तपासणी करून परवानो आनी नितळसाण नेमांकांचे उल्लंघन केल्ल्यान सात आस्थापनांचेर वट्ट 14 हजार रुपया लादल्यात.

**Sports**

स्कॉटलंडांतल्या ग्लासगो शारांत 23व्या कॉमनवेल्थ गेम्स ह्या सर्तीची सुरवात एका अदभूत उक्तावण सुवाळ्यान जाली, जाल्यार दुसरीकडेन दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल हरारे हांगा जाल्ल्या तीन मॅचींच्या मालिकेन पयल्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक सात विकेटींनी हारयलो.

**Weather**

गोंय हवामान केंद्रान 24 आनी 25 जुलयाक उत्तर आनी दक्षिण गोंया खातीर  यलो अलर्ट जारी केला. ह्या काळांत कांय सुवातींनी व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा आनी तेच बरोबर 40 ते 50 किमी वेगानं वारे येवपाची शक्यताय आसा. 24 ते 30 जुलय ह्या काळांत राज्यांतल्या चडशा सुवातींनी मध्यम पावस पडपाचो अदमास आसून चड पावस आनी खर वारें येवपाच्या काळांत नागरिकांनी गरजेची जतनाय घेवप आनी गरजे भायर प्रवास टाळचें अशें हवामान खात्यान  आवाहन केलां.

.